**अखील गोंय आंतर महाविद्यालयीन/उच्च माध्यमिक शाळा तियात्र सर्त 2024-25**

ता. 26 ऑगस्ट 2024

गोंय तियात्र अकादमीन गोंय कला अकादमीच्या जोड पालवान 28 ऑगस्ट ते 4 सप्टेंबर 2024 मेरेन दिनानाथ मंगेशकर कला मंदिरांत चौथ्या अखील गोंय आंतर महाविद्यालयीन/उच्च माध्यमिक शाळा तियात्र सर्त 2024-25 चे आयोजन केला. सर्त सांजेच्या 3.30 वरां सावन सुरू जातली.

सर्तीच्या उक्तावणाचो कार्यक्रम 28 ऑगस्ट दिसा सांजेच्या 3.15 वरांचेर जातलो. कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक श्री. सगुण वेळीप आनी कला अकादमीचे वांगडी सचीव श्री. अरविंद खुटकर उक्तावण कार्यक्रमाक उपस्थित आसतले.

28 ऑगस्ट दिसा कुजिरा-बांबोळीच्या एस.एस.धेंपो वाणिज्य महाविद्यालयावतीन "उड्ट्टा तो बुड्ट्टा" तियात्र सादर करपात येतलो. 29 ऑगस्ट दिसा कार्मेल महिला कला, वाणिज्य आनी विज्ञान महाविद्यालयावतीन "चुक कोणाची" तियात्र सादर करपात येतलो. 30 ऑगस्ट दिसा म्हापशेंच्या सेंट झेव्हियर महाविद्यालयावतीन "चित्रकार" तियात्र सादर करपात येतलो. 2 सप्टेंबराक नावेलीच्या रोझरी वाणिज्य आनी कला महाविद्यालयावतीन "निवलकांटो" तियात्र सादर करपात येतलो. 3 सप्टेंबराक पिलारच्या फा.आग्नेल म्हाविद्यालयावतीन "मोगा म्हाका मोगुच पुरो" तियात्र सादर करपात येतलो. 4 सप्टेंबराक पिलारच्या फा.आग्नेल उच्च माध्यमिक विद्यालयावतीन "रोमियो ज्युलिएट" तियात्र सादर करपात येतलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/438

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.